PANAJI REGIONAL 31/08/2026 @ 7.25 AM RAJASHRIKAMAT

GANESH

गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन आज 31 ऑगस्टसावन सुरू जाता. 31 ऑगस्ट ते 2 सप्टेंबर मेरेन 3 दिस चलपी अधिवेशनात तारांकीत आनी अतारांकीत मेळून 883 प्रस्न आसा. प्रस्नत्तरासयत झीरो आवर, लक्षवेधी सूचोवण्यो सरकारी विधेयकां कामकाजात आसतली. पुरवणी मागण्यांचे विनियोग विधेयक सादर जावन ते संमत जातलें. वकील सुरक्षा विधेयक, बेकायदा धर्मांतरण बंदी विधेयका सयत 15 सरकारी विधेयकां अधिवेशनात सादर जातली. पयले दिसा परबी दिवपी थारावा सयत शोक प्रस्तावांचेर चर्चा जातली. अधिवेशनात सत्ताधारी आमदारां सयत विरोधी आमदारांक लेगीत फावो ते प्रमाणात उलोवपाची संद मेळटली, अशें सभापती गणेश गावकार हांणी सांगलां.

rashmi

पर्वरी उड्डाणपुलाचें उक्तावण ९ सप्टेंबराक केंद्रीय येरादारी आनी रस्तो म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांच्या हस्तुकी जातलें. उपरांत ११ सप्टेंबराक दनपारच्यान ४ वरांच्यान, उड्डाणपूल भौशिक येरादारीखातीर उक्तो करपाचें आसा, अशी माहिती भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी दिली. सुमार साडेपाच कि.मी. लाम्बयेचो हो उड्डाणपूल गाडयांखातीर उक्तो जाल्या उपरांत पणजी-म्हापसा महामार्गाचेर जावपी येरादारी कोयडी व्हडा प्रमाणात कमी जावपाची शक्यता आसा. ९ सप्टेंबराक सांजवेळार ६ वरांचेर मॅजेस्टिक हॉटेलालागीं फीत कापून उड्डाणपुलाचें उक्तावण जातलें. इतले मजगती आदल्या दोन दिसां, म्हणजेच ७ आनी ८ सप्टेंबराक, लोकांक उड्डाणपुलाचेर चलुन वचुन पुल पळोवपाक मेळटलो. सेल्फी काडप, पूल पळोवप तशेंच वॉकेथॉन सारक्यो उपक्रम ह्या दोन दिसांनी पुलाचेर आयोजीत करतले अशे म्हणला.

Desk

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचें मन की बात कार्यावळ साखळेच्या रवींद्र भवनांत प्रसारित केल्ली. हे वेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद हाजीर आशिल्ले.

Subhash

भारतीय वैद्यकीय संशोधन शिक्षण मंडळान ९वी ते १२वीच्या विद्यार्थ्यां खातीर 'shine' ही राश्ट्रीय पांवड्यावेली सर्त आयोजीत केल्या. 'विकसित भारत २०४७ खातीर तरणाट्यांमदे वैज्ञांनीक उत्सुकताय निर्माण करप' ही या सर्तीची मुखेल संकल्पना आसा. गोंयच्या शिक्षण संचालनालयान परिपत्रक जारी करून राज्यातील सगल्यो सरकारी, सरकारी अनुदानित, खाजगी आनी खाशेल्या हायस्कूल तशेंच हायर सेकेंडरीच्या प्रमुखांक तांच्या विद्यार्थ्यांक या सर्तींत वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाविशी कळीत केलां. या सर्ती खातीर अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख ११ सप्टेंबर  आसा. सर्ती संबंदीत चड म्हायती खातीर shine.icmr.org.in ह्या संकेतथळाक भेट दीवंची

Desk

शारी उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हाणी गोंय राज्य शारी उदरगत खात्याच्या फुडारपणाखाला आल्त बेतीच्या विद्या एन्क्लेव कॉलनींत उक्त्या भौशीक सुवातेच्या उदरगती खातीर बुन्याद घाली. थळाव्या रहिवाशांक आर्विल्ल्यो मनरिजवणेच्यो सुविधा आनी बरी भौशीक सुवात दिवन सामुहीक मुळावी बांदावळ वाडोवपा खातीर हो प्रकल्प तयार केला.

Desk

10 ऑक्टोबराक गोंयांत ‘नॅशनल पॅलिअटिव्ह केअर कन्व्हेंशन 2.0’ घडोवन हाडटले.नॅशनल असोसिएशन ऑफ पॅलिएटिव्ह कॅर फॉर आयुष अँड इंटिग्रेटिव्ह मेडिसीनाचो गोंय विभाग शेनवार, 10 ऑक्टोबराक टर्मिनल बँक्वेट, काकुलो मॉल, सेंट इनेझ-पणजी हांगा 'नॅशनल

पॅलिएटिव्ह कॅर कन्व्हेन्शन 2.0' चे आयोजन करतलो. संस्थेची अध्यक्ष दोतोर  स्नेहा भागवत आनी आदले अध्यक्ष दोतोर वल्लभ धायमोडकार हांणी ही म्हायती दिली.

## Desk

"भुरगीं शिकून उंचेल्या पदांचेर पावल्यार पालकांचे जिवीत अर्थपूर्ण जाता" अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी म्हणला. दिवचल वीज कर्मचारी सहकारी पत संस्थेच्या उत्सवांत मुखेल सोयरे म्हण उलयताना म्हणले. दिवचल वीज कर्मचारी सहकारी पत संस्थेची 40वी वर्सपूर्ती आयतारा मनयली. ह्या कार्यावळींत निवृत्त कर्मचाऱ्यांचो भोवमान केलो आनी धावी बारावी परिक्षा पास जाल्ल्या वीज कर्मचाऱ्यांच्या गुणवंत विद्यार्थ्यांचो भोवमान केलो. दिवचलचे आमदार दोतोर चंद्रकांत शेट्ये या कार्यावळिक हाजीर आशील्ले.

## खेळ

बायलांच्या क्रिकेटांत काल रातीं दुबयंत जाल्या खेळात  थायलंडाचेर 94 धांवड्यांनी जैत मेळोवन भारतान टी-20 आशिया कप 2026 सर्तींत बरी सुरवात केली.

## हवामान

पणजी वेदशाळेन दिल्ल्या अदमासा प्रमाण, चडान चड तापमान ३१.2 अंश celcius आणि उण्यात उणे तापमान 24.5  अंश celcius अशे नोंद जाला. फुडले पाच दिस राज्यात हल्को ते मध्यम प्रमानात पावस पडतलो